**गोंयच्या पाणथळ वाठारांविशीं जागृताय कार्यक्रम जालो**

ता. 6 ऑक्टोबर 2021

कुडचडेच्या रविंद्र भवनात आयज गोंयच्या पाणथळ वाठारांविशीं अधिसुचोवणी आनी भविश्यांतले वाव ह्या विशयाचेर जागृताय कार्यक्रम जालो. गोंय राज्य पाणथळ वांठार प्राधिकरणान गोंय राज्य जैवविविधताय मंडळाच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यक्रमाचे उक्तावण वीज, पर्यावरण आनी कायदो मंत्री श्री. निलेश काब्राल हांचे हस्तुकीं जाले.

ह्या वेळार उलयताना श्री. काब्राल हांणी फुडल्या पिळगे खातीर भुंयेवयल्या उदकास्त्रोतांचे जतन करप प्रत्येक व्यक्तीची जबाबदारी आशिल्ल्याचे सांगलें. उदकाचो सांबाळ करप ही काळाची गरज आसा. गोंयांत उदकाचो उणाव ना, पुण उदकाचो सांबाळून वापर करपाक जाय, अशें तांणी सांगलें.

बऱ्या फुडाराखातीर आमी सैमाची राखण करपाक जाय. राष्ट्रीय समुद्र विज्ञान संस्थेन गोंयांतल्या पाणथळ वाठारांचो अभ्यास करून सविस्तर अहवाल तयार केल्लो आसून तो रोखडोच गोंय राज्य पाणथळ वांठार प्राधिकरणाच्या वेबसायटीचेर उपलब्ध करपात येतलो. भुंयमातेन आमकां जे दिला ते आमी सांबाळून दवरपाक जाय. राज्यांतले सगळें 49 पाणथळ वांठार अधिसुचीत करपात येतले, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार केपें म्हालांतल्या नंदा तळ्याच्या नाव तकट्याचें मंत्र्याहस्तुकीं अनावरण करपात आयले. कुर्टी खांडेपार, चोडण माशेल आनी कोरगांव जैवविविधताय वेवस्थापन समिती आनी हणजूणा सैंद्रिय शेतकरी सोसायटी हांचो ह्या वेळार पाणथळांचो जीर्णोद्धार केल्लेखातीर सत्कार केलो. 8 वेटलँड मित्रांकय ह्या वेळार मान्यताय दिली.

सीएसआयआर - एनआयओ चे शास्त्रज्ञ डॉ मंदार नानाजकर हांणी गोंय राज्यांतल्या पाणथळ वाठारांची म्हायती दिली. साश्ट म्हालांतले कोठंबी तळे, केपें म्हालांतले शेल्डें आनी नंदा तळे, तिसवाडी म्हालांतले चिंबल वा तोव्यार तळे, बार्देस म्हालांतले दाशी तळे पाणथळ वांठार म्हूण अधिसुचीत केल्यात.

गोंय विद्यापीठाच्या प्राणीशास्त्र विभागाचे सहाय्यक प्राध्यापक श्री मीनल देसाय हे कार्यक्रमाचे मुखेल उलोवपी आशिल्लें. गोंय राज्य जैवविविधताय मंडळाचे वांगडी सचीव डॉ प्रदिप सरमोकादम मानेस्तांक येवकार दिलो जाल्यार विश्वास देसाय हांणी उपकार मानले. कु. श्रृती साळगांवकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

काकोडा- कुडचडेचे नगराध्यक्ष श्री. विश्वास देसाय, जिल्हा पंचायत वांगडी सिध्दार्थ गांवस देसाय, सरपंच कायतान लिमा, उपनगराध्यक्ष रूचा वस्त, नगरसेवक आनी पंच वांगडी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/831

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji